Panaji Regional 14th February 2025 7.25am

PIB - 155

राज्य गुंतवणूक उर्बा मंडळाचे (आयपीबी) बसकेंत 733 कोटींच्या 9 प्रकल्पांक मान्यताय दिली. हाचे वरवीं 2319 जाणांक रोजगार मेळटलो, अशें ह्या वेळार पत्रकारां कडेन उलयतना मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. विशेश म्हळ्यार नोकऱ्यांनी गोंयकारांक प्राधान्य मेळचें हे खातीर सरकार यत्न करतलें. हे बसकेंत मंजुर केल्ल्या प्रकल्पांनी नव्या गुंतवणूकि, वांगडा वखदां निर्माण, गुदांव, मशीन टूल्स आनी पिवपाच्या मळावेलीं उत्पादन सुविधांचो विस्तार करप हांचो आसपाव आसा. मुख्यमंत्री सावंत हांचे अध्यक्षते खाला ही बसका जाली. ह्या प्रकल्पांत प्रॉक्टर अँड गॅम्बलची उपकंपनी 'जिलेट डायव्हर्सिफायड ऑपरेशन्स प्रायव्हेट लिमिटेड' खाला विस्तार आनी झायडस लायफसायन्सेस लिमिटेडच्या एका प्रकल्पाचो आसपाव आसा. हाचे भायर सिप्ला आनी हेर भोवराष्ट्रीय कंपन्यांक कुंडय उद्देगीक वसणुकेंत उत्पादन केंद्राच्या विस्ताराक मान्याताय मेळ्ळया. गोंय सरकारन लॉजिस्टिक्स मळाक उद्देगाचो दर्जो दिला. हाचे खाला मेसर्स एक्सप्रेस मशीन्स ऍण्ड स्कॅफोल्डिंग प्रायव्हेट लिमिटेडाक राज्यांत आनीक एक व्हड गोदाम (स्टोरेज) सुविधा स्थापन करपाक मंडळान मान्यताय दिल्या. हाचे वांगडा, राज्य गुंतवणूक प्रोत्साहन मंडळाची पूर्व मान्यताय मेळिल्ल्या केपेंच्या इंडियन होटल्स कॉर्प. लिमिटेड. च्या ईको-टुरिझम प्रकल्पाच्या विस्ताराकूय मान्यताय दिल्या.

महाकुंभ यात्रे 85

मडगाव: प्रयागराज हांगा चालू आशिल्ले महाकुंभ यात्रे खातीर काल मडगांव रेल्वे स्थानकावयल्यान सुमार देड हजार भाविकांक घेवन एक खाशेली रेल्वे गाडी भायर सरली.

समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी ह्या भाविकांक निरोप दिलो. तांच्या वांगडा मुरगांवचे आमदार संकल्प आमोणकार हेय हाजीर आशिल्ले.ह्या आदीं फाटल्या सप्तकांत सुमार 1300 भाविक गोंयांतल्यान कुंभमेळ्याक गेल्ले. तेन्ना लेगीत फळदेसाय हांणीच तांकां निरोप दिल्लो. आयज ह्या भाविकाक निरोप दिवपा खातीर एक खाशेल्या ढोलतासो पंगडाक आपयल्ले. कुंभ मेळ्याक वतना भक्तांनी स्वत:ची आनी आपल्या वांगडा आशिल्ल्यांचीय जतनाय घेवची अशें आवाहन फळदेसाय हांणी केलें.

120

ब्रिटिश पर्यटक डॅनियली मॅकलॉग्लीन खून प्रक़रणाचाे आज निकाल

मडगाव: आठ वर्सां पयलीं काणकोणा घडिल्ल्या

आनी ते उपरांत पुराय संवसारात ताचे पडसाद उमटिल्ल्या ब्रिटीश पर्यटक डॅनियली मॅकलॉग्लीन हिच्या खून प्रकरणाचाे निकाल आज शुक्रार १४ फेब्रुवारी दिसा मडगांवच्या दक्षिण गोंय जिल्हो न्यायालयात दितले.

दक्षिण गोंयच्यो अतिरिक्त सत्र न्यायाधीश क्षमा जोशी हांच्या न्यायालयात काल हो निकाल जाहीर जावपाचो आशिल्लो. मात ही सुनावणी आज मेरेन फुडे धुकल्ली. आता आज दनपरां न्या. जाेशी आपलो निकाल दितल्यो.

मार्च २०१७त राजबाग - काणकोण हांगा डॅनियली मॅकलॉग्लीन ह्या २८ वर्सांच्या ब्रिटीश युवतीचो खून जाल्लो. त्या आदी तिचेर लैंगिक अत्याचारय जाल्लो अशे काणकोण पुलिसांनी सादर केल्ल्या आरोपपत्रात म्हळां. ह्या प्रक़रणात विकट भगत ह्या दुबाविताक काणकोण पुलिसांनी अटक केल्ली. काल ह्या प्रकरणाचाे निकाल आयकुपाक डॅनियली मॅकलॉग्लीन हिच्या घरातली तशेच ब्रिटीश दुतावासाचे अधिकारी मडगाव न्यायालयात हाजीर जाल्ले.

**15 आनी 16 फेब्रुवारीक युवा कोंकणी साहित्य संमेलन 250 डॅस्क**

गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी आनी रोजरी वाणिज्य आनी कला म्हाविद्यालय, नावेली हांच्या जोड पालवान 15 ते 16 फेब्रुवारी असे दोन दीस 24 वें युवा कोंकणी साहित्य संमेलन आयोजीत केलां. ह्या सुवाळ्याक नामनेचे लेखक आनी पत्रकार विनायक होगाडे संमेलनाचे उद्घाटक म्हूण हाजीर आसतले. तशेंच संमेलनाध्यक्ष जोफा गोन्साल्वीस उपस्थीत आसतली, अशें गोवा कोंकणी अकादेमीचे अध्यक्ष वसंत सावंत हांणी सांगलें. हे कार्यावळी विशीं म्हायती दिवपा खातीर कोंकणी अकादेमीन पणजे पत्रकार परिशद घेतिल्ली. ह्या वेळार अकादेमीचे अध्यक्ष वसंत सावंत, अधिकारी दत्तराज नायक, रोजरी म्हाविद्यालयाचे प्राध्यापक डॉ. डेनीस वाझ आनी रोमन रॉड्रीग्स हाजीर आशिल्ले.

**जिणेकौशल्य शिक्षणाचेर परिशदेचें आयोजन डीआयपी 85**

भारतीय जिणें-कौशल्य शिक्षण संघटनेन पणजेच्या निर्मला शिक्षण संस्थेच्या जोड पालवान 27 फेब्रुवारी ते 1 मार्च 2025 मेरेन जिणें-कौशल्य शिक्षणाचेर 10व्या आंतरराष्ट्रीय परिशदेचें आयोजन केला.

"जिणेकौशल्य एकात्मिक शिकप आनी जीण- शाश्वत भविश्या खातीर मार्ग, शिक्षणात जिणेकौशल्याचो आसपाव करपा खातीर उपायांचेर भर आनी सर्वांगिण वयक्तिक आनी सामाजीक विकासाक मजत करपा खातीर आधुनिक जिणेशैली" असो परिशदेचो विशय आसा. ह्या परिशदेच्या माचयेर विचारवंत, शिक्षक, संशोधक आनी हेर तंज्ञ एकठाय येवन विशयाचेर चर्चा करतले आनी गिज्ञानाचें दिवप घेवप करतले.